**गोठो सजावट सर्तीचो निकाल**

ता. 3 जानेवारी 2026

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नाताला निमतान संस्थां/पंगड आनी वैयक्तीक/घरगुती अशा दोन गटांखातीर आयोजीत केल्ल्या राज्य पावंड्यावयल्या गोठो सजावट सर्तीचो निकाल जाहीर केला. गोंयांत गोठो सजावटीची परंपरा तिगोवन दवरपा खातीर दर वर्सा खात्यावतीन अशी सर्त आयोजीत करपात येता. ह्या वर्सा सर्तीत संस्थां/पंगड गटात 25 आनी वैयक्तीक/घरगुती गटात 55 जाणांनी वाटो घेतिल्लो.

संस्थां/पंगड गटात सर्तीचे पयले 40,000/- रूपयांचे इनाम मांडोप बॉयस, कपेलवाडो, नावेली साश्ट, दुसरे 35,000/- रूपयांचे इनाम तळपा खुरीस स्पोर्टस एण्ड कल्चरल क्लब, दिकारपाली नावेली, तिसरे 30,000/- रूपयांचे इनाम क्रियेटिव्ह बॉयस, फोन्साभाट वाडी मेरशी, चवथे 25,000/- रूपयाचे इनाम झोन 9, सारझोरा चिंचीणी साश्ट, पाचवें 20,000/- रूपयांचे इनाम नेविटी क्रिव्ह ऑफ होली स्पिरीट चर्च, फातोर्डा मडगांव हांका जाल्यार उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 15,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र होली क्रॉस बॉयस, खामामळ-कुडचडे, क्रॉस बॉयस ऑफ कारमोणा, आलेमाव शिर, कारमोणा साश्ट, सेंट जोसेफ पॅरीश युथ, धर्मापूर साश्ट, होलीक्रॉस युनिव्हर्सल, खांडेपार, उजगांव आनी पॅरीश युथ ऑफ सेंट एनी चर्च, आगोंद-काणकोण हांका फावो जाला.

वैयक्तीक/घरगुती गटात पयले 25,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र आर्मस्ट्रॉग पी. द मिनेझिस, घर नं. 466, होली क्रॉस चपेला लागी, आके बायश, नोवेली साश्ट, दुसरे 20,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र मिंगेल फर्नांडिस एण्ड सन्स, सांताकृज-फोंडा, तिसरे 15,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र रिचर्ड सी. काल्देरा, सांताकृज-फोंडा, चवथे 12,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र आमरॉय व्हिएगस, ताळगांव कार्दोयवाडो आनी पाचवे 10,000/- रूपयांचे इनाम लादि ए. रॉंकन, कांपाल पणजी हांका फावो जाला. जाल्यार उमेद वाडोवपी प्रत्येकी 7,000/- रूपयांचे इनाम आनी प्रशस्तीपत्र डॅरिक डायस, आको बायश, गावठा मरड, नावेली, साश्ट, सानियो ज्योविन नोरोन्हा, बोर्डा मडगांव, आलेक्स सिल्वेरा, शिरोडा फोंडा, झेव्हियर फर्नांडिस, वाडी-मेरशी आनी दुआन एंजेलो पेरेरा, गावसावाडो- म्हापसा हांका फावो जाला.

श्रीमती सोनिया रॉड्रिग्स सबरवाल, फॅबियानो गोन्साल्विस आनी संदेश सोनू ऩाईक हांणी सर्तिचें परिक्षण केले. इनामां भेटोवपाच्या कार्यावळीची तारीख उपरांत कळयतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/15

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.